
# 1 केंसाळ माजरांक सोदप




## आमी म्हणया

पळयतां...पळयतां....पळयतां...
म्हज्या केंसाळ माजराक पळयतां



तूं जनेलाच्या
**पाख्यार**
बसलां?



तूं म्हज्या खाटी **पोंदा** न्हिदलां?

खंय आसा तूं म्हज्या माजरां?



पळयतां...पळयतां....पळयतां...
म्हज्या केंसाळ माजराक पळयतां
तूं दप्तरां **भितर** आसा?



तूं तांबड्या खणां **भायर** आसा?

खंय आसा तूं म्हज्या
केंसाळ माजरां?



© NCERT not to be republished


येयात... येयात... येयात...


म्हजे कडेन यो म्हज्या माऊं


तुका म्हज्या भरणेच्या धांपण्या
कडेन पळयलें.

तुका म्हज्या गाडयेच्या **वयर**
खेळटनां पळयलें.

म्हजे कडेन यो म्हज्या माऊं







येया... येया... येया...
म्हजे कडेन यो म्हज्या माऊं
चेप्यां **वयल्यान** उडी मारतना तुकां
पळयलें.

तुका शेंदरे **पोंदा** लिपतना
पळयलें.....
आयलें म्हजें माऊं

ही कविता मोठ्यान वाचात. भुरग्यांक ती म्हणपाक लावन ताचेर विचार करपाक लायात. चित्राक पळोवन भितर कितें आसा हें भुरगीं सांगपाक शकतात आनी ज्यो गजाली वयर, सकयल, पोंदांक, आदी आसात तांचेर विचार करपाक लायात. जीं जनावरां तीं तांच्या भोंवतणी पळयतात तांचेर तांका उलोवपाक लायात देखीक माजरां, सुणो, गोरवां आदीं.



© NCERT not to be republished

## कवितेच्या चित्रांक पळोवन योग्य त्या शब्दां भोंवतणी गोल करात.

1. बॉल खाटी **वयर/ खाटी पोंदांक /खाटीर** आसा.
2. माजर गाडये **भितर/ गाडये भायर/ गाडयेंत** आसा.
3. मनीस झाडां **पोंदांक /झाडां भितर/झाडार** आसा.
4. गाय घरां भितर/घरां वयर/ घरां भायर आसा.



## विचार करून जाप दियात

1. तूं तुजे बूट खंय दवरतां? भितर/कुडी भायर.
2. तूं तुजो कचरो खंय उडयता? कोयरां काशीं भितर/ भायर.



## आतां खेळया- ह्यो गजाली सोदात.

भुरग्यांनी दोन गट करपाक जाता. एक गट कांय गजाली लिपयतलो देखीक धवो चॉक, तांबडो बॉल आनी हेर गजाली आनी दुसऱ्या गटांक त्यो सोदपाक लायतले. भुरगीं वस्तूं सोदपा खातीर परिणामकारी शब्दांचो वापर करून तोंडान अटी सांगपाक शकतात देखीक भितर/भायर, लागीं/पयस, वयर/ सकयल आदी.

देखीक:



- अश्या एका धव्या रंगाचे गजालीक **पळयात** जी फळ्यांच्या फाटल्यान **आनी** टेबलाच्या पोंदांक लिपयल्या.
- वर्गा **भायर** आनी झाडा खाला आशिल्ल्या एका ताबंड्या गजालीक **पळयात.**

© NCERT not to be republished


## आतां खेळया. बॉल उडय.


दरेक भुरगें नेम धरून बॉल टोपलेंत उडयता .
जेन्ना बॉल भितर वतलो, दुसरो भुरगो **भितर** म्हणटलो आनी
जेन्ना टोपलेच्या भायर वतलो तेन्ना **भायर** म्हणटलो.



## सुरवात करया

1. भितर आशिल्ल्या गजालींक ✓ खूण करात.





ही क्रिया अशें तरेन घेवपाक जाय जेणे करून साबार कार्य क्षमतेचीं सगळीं भुरगीं हातूंत वाटो घेतलीं. देखीक, एक घुंगुरू बॉलाक बांदूक जाता आनी टोपलेचो फुडो टोपलेच्या भितरल्या आकार परस वेगळो आसपाक जाय जेणे करून जेन्ना बॉल टोपलेच्या भितर वा भायर पडटलो तेन्ना एक खाशेलो असो आवाज येतलो.

© NCERT not to be republished

2. भायर आशिल्ल्या गजालींक ✓ खूण करात.





3. छायाचित्राक पळोवन योग्य शब्दाचो पर्याय ✓ वेंचात.

i. चलो **झाडाचेर/ झाडा** सकयल बसला.

ii. सवणें **झाडाचेर/ झाडार** बसल्या.



4. नाका सकयल हांश्याचें चित्र काडात आनी दोळ्यां वयर भोंवयो काडात.



© NCERT not to be republished

5. आमच्या राष्ट्रीय झेंड्याक पळयात जाका आमी *तिरंगा* म्हणटात. तांतूत कितले रंग आसात?

योग्य पर्याय ✓ वेंचात.

i. *झेंड्याच्या* सगळ्यांत **वयर** खंयचो रंग आसता?

**धवो/ केशरी/ पांचवो**

ii. खंयचो रंग *तिरंग्यांच्या* धव्या रंगाच्या सकयल आसता?


**गुलाबी/ केशरी/ पांचवो**

iii. *तिरंग्यांक* खंयचो रंग पांचव्या रंगाच्या वयर आसता?

**धवो/ केशरी/ हळडुळो**

iv. *तिरंग्यांत अशोक चक्र* खंय आसता?

**कोनश्यांक/ मदीं/ कडेक**




© NCERT not to be republished

आमी तिरंगो कित्याक फडकयतात हाचे विशीं भुरग्यां कडेन उलयात. भुरग्यांक राष्ट्रीय सणांविशीं तांच्यो भावनां उक्तावपाक लावप. भुरग्यांक स्वता जावन *तिरंगो* करपाक लायात आनी *तिरंग्यांक* फुडो करून राष्ट्रगीत म्हणपाक लायात.



## झूक झूक करून आमची रेल्वे वता.

गाडयेचो चफ आवाज! गाडयेचो चफ आवाज!
वता आमची गाडी.
दोंगुल्ल्यांचेर आनी सकयल मळांमेरेन.
गाडयेचो चफ आवाज! गाडयेचो चफ आवाज!
वता आमची गाडी.
माझ्या बोगीच्या **आदीं** बोगी, .
म्हज्या बोगी **उपरांत** बोगी,
साखळी करप,
न्हंयांचेर आनी पावसाच्या वेळार.
गाडयेचो चफ आवाज! गाडयेचो चफ आवाज!
वता आमची गाडी.





1. रेल्वेच्या इंजिना **फाटल्यान** कितले बोगधें आसात?
2. रेल्वेच्या **तांबड्या बोगध्यां** फाटल्यान कितले बोगधें आसात?
3. तांबड्या बोगध्यां **फाटल्यान** आशिल्ल्या बोगध्यांक **नारंगी** रंगान रंगयात.
4. तांबड्या बोगध्या पयलीं आशिल्ल्या बोगध्यांक **निळ्यां** रंगान रंगयात.

भुरग्यांक तांच्या रेल्वे प्रवासांतले अणभव सांगपाक लायात. जीं भुरगीं केन्नाच रेल्वेंतल्यान वचूकनात तांणी रेल्वे प्रवासां बद्दल प्रश्न विचारपाक जाता. रेल्वे कशी आसता हाचेर भासाभास जावंनी. तांका पेपराचेर रेल्वे काडपाक लायात वा ते टाकावू वस्तूं देखीक बॉक्सां, कॅन वापरून रेल्वे करपाक शकतात.



© NCERT not to be republished

## चलात खेळयात.

सगळीं भुरगीं मेळून, एकामेकाच्या खांदार हात दवरून रेल्वेच्या आकारान रावन एक गीत म्हणत खेळ खेळटलीं. सगळीं जाणां एकामेकां फाटल्यान कोण आसात हें सांगतलीं.




सुवाली आनी रोहित कांय नगांचे विभाग करतात.





भुरग्यांकूय बीन वस्तूंचो क्रमान वापर करपाक दिवप देखीक बियो, पानां, मणी वपरून अशेंच तरेची क्रिया करुंक दिवंच्यो.



© NCERT not to be republished

## सुरवात करया.

सुवालीन सगळे बुतांव एकाच गटान दवरल्यांत.



सुवाली अशें तरेचे गट कित्याक केल्यांत?

हे बटण हेर रितीन क्रमवारीत करपाक सुवालीक मदत करात तांकां रेखांकन करप.

© NCERT not to be republished

## प्रकल्पाचे काम

भुरग्यांक वर्गांतली आलमारी मांडपाक सांगात. तांकां स्थानिक शब्दसंग्रह वापरून वस्तू दवरपाक सांगात जशीं सकयल्या रॅकांत दोन वस्तू, वयल्या रेकांत एक वस्तू दवरप आदी.